West Bengal- PM (90)

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज अस्तंत बंगालांतल्या लोकांक येवपी विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक मत दिवचें आनी 'बिकोशितो पश्चिमोंगो' (विकसीत अस्तंत बंगाल) करपाच्या उपक्रमाक चालना दिवपाचें आवाहन केलें. नरेंद्र मोदी हांणी बंगाली नव्या वर्साच्या निमतान बंगालांतल्या लोकांकडेन पत्रावरवी विचार उक्तायल्यात.

सध्याच्या सत्ताधारी पक्षाच्या राजवटींत पुराय अस्तंत बंगालांत भंयाचें वातावरण आसा आनी तरणाटे बेकार आशिल्ल्यान हेर राज्यांनी वचपाक लायतात अशें तांणी सांगलें. भाजपा सत्तेर आयले उपरांत खंयचोच तरणाटो रोजगारा खातीर राज्या भायर वचचो ना अशे आश्वासन तांणी दिलें. प्रधानमंत्री मोदी हाणी बंगालांतल्या लोकांक बायलांची सुरक्षीतताय आनी सुरक्षेकडेन सगळ्यांत चड प्राधान्य दितले अशेंय आश्वासन दिलां.

PM Karnataka Visit- (92)

'विकसीत भारत' साकार करपा खातीर उदरगतीच्या मळार प्रामाणीकपणान समर्पीत जावचें अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक केलां. कर्नाटकांतल्या आदिचुंचनागिरी मठ हांगाच्या गुरु भैरवैक्य देवळाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत आयज उलयतना प्रधानमंत्री हांणी सांगलें की समाजा खातीर आपलें जिवीत ओंपपी संतांची आनी समाजाची हीच नदर आशिल्ली.

प्रधानमंत्री मोदी हाणी नागरिकांक एकठांय येवपाचें आवाहन केलें.  देशी वस्तू आनी उद्देजकांक चालना दिवन स्वदेशी चळवळीक चालना दिवपाचोय उलो तांणी मारलो. भारतीय लोकानीं देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी भेट दिल्यार पर्यटनाक चालना मेळूं शकता अशेंय तांणी सांगलें. तशेंच रसायनां आनी कीटकनाशकां टाळून सेंद्रीय आनी सैमीक शेती करपा विशीं ते उलयलें.

Mamata Banarjee (62)

अस्तंत बंगालची मुखेलमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी आयज  बंगाली नव्या वर्साच्या निमतान अस्तंत बंगालांतल्या लोकांक संबोधीत केलें. राज्यांत सांस्कृतीक आनी धर्मीक समरसताय तिगोवन दवरपा खातीर येवपी विधानसभा वेंचणुकेंत लोकांनी मतदान करचें अशें आवाहन ताणी  केलें. भाजपान एसआयआर वरवीं अस्तंत बंगालांतल्या लोकांचो मतदानाचो हक्क उणो केला असो आरोप ममता बॅनर्जी हांणी केला. अस्तंत बंगालांतल्या लोकांक येवपी वेंचणुकेंत तृणमूल काँग्रेसीक मत दिवपाचें आवाहन ताणी केलें.

Russia-Ukraine War- ( 63)

रशियेन काल रातीं युक्रेनाचेर व्हड प्रमाणांत हल्लो करून दक्षिण बंदराच्या मुळाव्या साधनसुविधांक निशाणो करपा खातीर शेंकड्यांनी ड्रोन आनी तीन बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्रां वापरलीं. ह्या हल्ल्यांत एकल्याक मरण आयलें आनी सात जाण जखमी जाल्यात अशें युक्रेनच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

युक्रेनच्या हवाई दळान सांगलां की, रातच्या वेळार 324 ड्रोन, क्षेपणास्त्रां सयत उडयल्यात. ताच्या हवाई संरक्षणान 309 ड्रोन आडायले, पूण क्षेपणास्त्रां आनी 13 ड्रोनांनी 9 लक्ष्यांचेर धपको दिलो.

Unemployment – ( 70)

सांख्यिकी आनी कार्यावळी अंमलबजावणी मंत्रालय म्हटल्यार (Ministry of Statistics and Programme Implementation) न जाहीर केल्ल्या म्हयन्याळ्या कामगार बळ आनी बेकारीच्या आंकड्यां प्रमाण देशांतल्या 15 वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या लोकसंख्येचें बेकारीचें प्रमाण (यूआर) मार्चांत मात्शें वाडून 5.1 टक्के जालां, जें अंदू फेब्रुवारींत 4.9 टक्के आशिल्लें. 15 वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या बायलां मदीं एकंदर बेकारीचें प्रमाण फाटल्या म्हयन्यांत 3 टक्क्यांनी वाडलां, तशेंच दादल्यां खातीर एकंदर बेकारीचें प्रमाण 5 टक्क्यांनी वाडलां.

CBSC Result – (69)

सीबीएसईन 2025-2026 वर्साखातीर 10 च्या वर्गाचे निकाल जाहीर केल्यात, तातूंत एकंदर उत्तीर्ण जावपाची टक्केवारी 93.70 टक्के आसा. या निकालांत चलीयांनी चल्या भुरग्यांपरस 94.99 टक्के मेळोवन यशस्वीपणान कामगिरी केल्या, जाल्यार तिरुवनंतपुरम आनी विजयवाडा या भागांनीं चली भुरगी 99.79 टक्के गुण मेळोवन फुडें आसात. विद्यार्थ्यांक cbse.gov.in, DigiLocker वा Umang App ह्या अधिकृत संकेतथळा वयल्यान आपले गूण तपासूंक मेळटलें. ते भायर मंडळान नोंदणीकृत ईमेल पत्त्याचेर थेट संस्थांक निकाल धाडला अशें शाळांनी सांगलां.

Weather –(50)

गोंयांत उश्णताय वाडिल्ल्यान सध्या नागरिकांक व्हड त्रास सोंसचे पडटात. हे फाटभुंयेर भारतीय हवामान खात्यान नागरिकां खातीर कांय म्हत्वाचीं मार्गदर्शक तत्वां आनी उपाय जाहीर केल्यात.
वेळेचे नियोजन: सकाळीं १०:३० ते दनपारां ३:३० मदीं हवामान चड अस्वस्थ आसता. देखून शक्य जाल्यार ह्या वेळार भायर सरप टाळचें.

कामाचे वेळ: तुमचीं दिसपट्टीं कामां सकाळीं पयलींच वा सांजवेळा उसरां पुराय करपाचो यत्न करपाचो.
हायड्रेटेड रावचें: उदकाची पातळी सांबाळपा खातीर भरपूर उदक पियेवचें आनी सदांच उदकाची बाटली आपल्या वांगडा व्हरची.

जाण्टे आनी भुरग्यांक ह्या उश्णतेंत खाशेली जतनाय घेवपाची गरज आसा, कारण तांकां ह्या हवामानाची चड त्रास जाता. हवामान तज्ञांच्या मतान हांच्यानी वाताचो थेट संपर्क टाळप आनी योग्य जतनाय घेतल्यार उश्णतायेक लागून जावपी समस्या टाळपाक मदत जाता. फुडले कांय दीस गोंयचें हवामान अशें उरपाची शक्यताय आशिल्ल्यान नागरिकांनी सादूर रावपाची गरज आसा.

IPL Cricket- (39)

आयपीएल क्रिकेट सर्तीन काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत चेन्नय सुपर किंग्सान कोलकाता नाइट रायडर्साक 32 धांवड्यांनी हारयलो. आयचे मॅचींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूचो पंगड लखनौ सुपर जायंटस पंगडा आड खेळटलो. हो सामनो बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातलो.